# गोंय राज्य जैविकविविधताय जतन पुरस्कार जाहीर

ता. 30 सप्टेंबर 2020

गोंय राज्य जैविकविविधताय मंडळान गोंय सरकाराचे "गोंय राज्य जैविकविविधताय जतन पुरस्कार वर्स-2020 " जाहीर केल्यात. जैविकविविधताय, जीवशास्त्र आनी पर्यावरण जतन क्षेत्रातल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर हे पुरस्कार दितात. हे पुरस्कार उत्कृश्ट जैविकविविधताय वेवस्थापन समिती गटात (उत्तर आनी दक्षीण गोंय प्रत्येकी एक ) रू.50,000/- आनी वैयक्तिक गटात (उत्तर आनी दक्षीण गोंय प्रत्येकी एक ) रू. 25,000/- चे पुरस्कार दितात. तशेंच खास तोखणाय इनाम म्हुण 4 जैविकविविधताय वेवस्थापन समितीक प्रत्येकी रू. 10,000/- आनी वैयक्तिक गटात प्रत्येकी रू.5,000/-ची चार इनामां दितात.

उत्कृश्ट जैविकविविधताय वेवस्थापन समिती गटात रू.50,000/- चो पुरस्कार उत्तर गोंयांतल्या आगरवाडा चोपडे जैविकविविधताय वेवस्थापन समिती आनी दक्षीण गोंयांतल्या श्रीस्थळ जैविकविविधताय वेवस्थापन समितीक फावो जाला. जाल्यार ह्या गटात 10,000/- रूपयांचो खास तोखणाय पुरस्कार हणजूणे कायसूव बीएमसी, चोडण माडेल बीएमसी, कुर्टी खांडेपार बीएमसी, चिकली बीएमसी आनी पणजी महापालिका बीएमसीक फावो जाला.

वैयक्तिक गटात रू. 25,000/- चो पुरस्कार उत्तर गोंयातल्यान श्री. सुर्यकांत गांवकर हांका आनी दक्षीण गोंयातल्यान श्री. जानू गांवकर हांका फावो जाला. जाल्यार ह्या गटात 5,000/- रूपयांचो खास तोखणाय पुरस्कार श्री. अंकुश उत्तम बगळी, आगरवोडो पेडणे, श्री. आग्नेल फर्नांडिस, नेरूल बार्देस, श्री. शिरीष गोपाळकृष्ण पै, श्रीस्थळ काणकोण, श्री. ओंकार धारवाडकर, फोंडे.

बीएमसी सचिवांखातीर 5,000/- रूपयांचे खास तोखणाय इनाम- संदीप देसाय, श्रीस्थळ, विनोद शिंदे, बार्शे, गोकुळदास कुडाळकर, कुर्टी-खांडेपार, रविंद्र वाडिकर, शेल्डे, श्रीमती आशा मेस्ता, चिकोळणा बोगमाळो, आल्वितो डिसिल्वा, पोंबुर्पा ओलावली, गणपत सुध्दये, पीडीएफ बीएमसी, सुशांत नाईक, तिवरे वरगांव, प्रजानन नाईक, सुर्ला, मुकुंद उकशेकर, वारखंड नागझर, संजीत रॉड्रिग्स, सीसीपी पणजी आनी लेन्सी डायस, कुडका बांबोळी हांका जाल्यार खास प्रशस्तीपत्र सदाशिव दत्ता, शापोरा, एड. प्रकाश महादेव गोवेकर, चोपडे, साहिल विजय वारंग, कामुर्ली, गोविंद भोबे, नेरूल, आशु अभय कोरडे, बोरी, संदीप एन. एस. पारकर, खांडेपार, दामोदर वसंत च्यारी, श्रीस्थळ, फा. बोलमॅक्स पेरेरा, चिकली आनी सदानंद गावडे, प्रियोळ हांका दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/513

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA